आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

राष्ट्रीय खबरो

Date : 16/08/2025 6.30 PM

45

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी आयज राष्ट्रपती उद्यानातल्या प्लुमेरिया गार्डन, बॅनयन ग्रोव आनी बबलिंग ब्रुकचें उक्तावण केलें. प्लुमेरिया गार्डन, बॅनयन ग्रोव आनी बबलिंग ब्रुक आतां उद्यानाचो एक भाग जाला अशे ताणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत सांगलें. फुडल्या म्हयन्याच्या 14 तारखे मेरेन अमृत उद्यान लोकां खातीर उक्ते आसतले.

70

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां नवी दिल्लींत सुमार 11 हजार कोटी रुपयांच्या दोन व्हड राष्ट्रीय म्हामार्ग प्रकल्पांचें उक्तावण करतले. ह्या प्रकल्पांत द्वारका एक्सप्रेसवेचो दिल्ली विभाग आनी अर्बन एक्सटेंशन रस्त्याच्या दुसऱ्या भागाचो आस्पाव जाता. राजधानी दिल्लीच्या लोकांक येरादारीची सोयी खातीर सरकाराच्या दृश्टीकोना प्रमाण हे प्रकल्प तयार केल्यात अशें प्रधानमंत्री कार्यालयान निवेदनांत म्हणलां. ह्या प्रकल्पांक लागून गर्दी उणी जातली ,प्रवासांत वेळ वाचतलो आनी वाठारांतल्या येरादारीत सुदारणा जातली . उपरांत प्रधानमंत्री भौशीक बसकेंत उलोवप करतले.

40

येसस्वी अंतरिक्ष मोहिमे उपरांत भारतीय अंतरिक्ष यात्री शुबंशु शुक्ल फाल्यां भारतांत पावतलो. भारतांत येतकच पयलीं प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची भेट घेतलो उपरांत तो आपल्या मूळ गांव लखनौक वतलो . जून म्हयन्यांत ‘ॲक्सियम 4’ मोहिमेवरवी आंतरराश्ट्रीय अंतरिक्ष केंद्राचेर पावपी तो पयलो भारतीय थारला .

60

अमेरिकेच्या अलास्कात अमेरिकेचे  अध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प आनी रशियेचे अध्यक्ष व्लादिमीर पुतीन हांचे मदीं जाल्ल्या शिखर सभेक भारतान येवकार दिला. शांतताये खातीर दोगांयचें फुडारपण खूब तोखणायेचें आसा अशें विदेश मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां. ह्या शिखर सभेंत जाल्या उदरगतीची भारतान तोखणाय केल्या. संवाद आनी राजनयिक मुत्सद्देगिरींतल्यानच फुडें वचपाचो मार्ग मेळटा अशें मंत्रालयान सांगलां. युक्रेनांतलो संघर्श बेगीन सोंपपाची संवसाराक इत्सा आसा अशें मंत्रालयान मुखार सांगलां.

70

विदेश मंत्री डॉ. एस जयशंकर हाणी अंदूं एप्रीलांत पहलगामांत जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्याचो दक्षिण कोरियान निशेध केल्ल्या खातीर दक्षिण कोरियाचे विदेश मंत्री च्यो  ह्युन ह्यांचे उपकार मानल्यात . आयज नवी दिल्लींत जाल्ले बसकेंत संरक्षण, सुरक्षा, वेपार सारक्या हेर जायत्या विशयांचेर भासभास जाली अशें तांणी सांगलें. तशेच कृत्रिम बुध्दीमत, सेमीकंडक्टर, नितळ उर्जा आनी संरक्षण अशा मळर नव्या संदांचेरूय चर्चा जाली अशें ताणी मुखार सांगलें. भारत-पॅसिफिक वाठार आनी सध्याच्या संवसारीक घडामोडींचेरूय चर्चा जाली अशें डॉ.जयशंकर हांणी सांगलें

60

भगवान श्रीकृष्णाच्या जन्माचे प्रतीक अशिल्ली जल्माष्टमीची परब आयज देशभर भक्तीभावान आनी धर्मीक उमेदिन मनयतात. संवसारभरांतले लोक हो भव्य उत्सव पळोवपा खातीर मथुरेत पावल्यात मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ हाणी आयज श्री कृष्ण जन्मोत्सवांत वांटो घेतलो. हे पवित्र भुंयचे उदरगती खातीर डबल इंजिन सरकार बंदिल आसा अशें ताणी सांगलें. गुजरातांतल्या सगळया कृष्णमंदिरांनी, खास करून द्वारकाधीश डाकोर आनी शमलाजी देवळांत दर्शन आनी पुजे खातीर भक्तनी गर्दी केल्या.

55

विदेश सचीव विक्रम मिसरी फाल्यां सावन दोन दिसांच्या अधिकृत नेपाळ भोवंडेर वतले. भारत आनी नेपाळामदीं घटमूट आनी इश्टागतीचे  संबंद आसात आनी हालींच्या काळांत सहकार्याच्या वेगवेगळया मळार व्हड प्रमाणांत प्रगती जाल्या अशें विदेश मंत्रालयान सांगलें.तशेच  भारत आपल्या शेजार पयलो धोरणांवरवी  नेपाळा कडेन आशिल्ल्या संबंदांक व्हड प्राधान्य दिता आनी द्विपक्षीय संबंद आनीक वाडोवपाची संद मेळटली अशें मंत्रालयान म्हणलां.

55

चीनचे विदेश मंत्री आणि चीनच्या कम्युनिस्ट पक्ष पॉलिटब्युरोचे वांगडी वांग यी सोमारा सावन दोन दिसांच्या भोंवडेर भारतांत पावतले. राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजीत दोवाल हांच्या आपोवण्यावेल्यान ते भारताक भेट दितात. हे भेटी वेळार चीनाचे विदेश मंत्री भारताचे प्रतिनिधी डोवाल वांगडा भारत-चीन शिम प्रस्नाचेर प्रतिनिधीं पावंद्यावेली खाशेली उलोवणी करतले. तशेच ते विदेशमंत्री डॉ. एस. जयशंकर वांगडा द्विपक्षीय बसका घेतीले .

45

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज दिल्लींत आदले प्रधानमंत्री अटल बिहारी वाजपेयीचे पुण्यतिथी निमतान सदैव अटल स्मारकाचेर फुलांनी आरगा ओपली. अटल बिहारी वाजपेय हे राष्ट्राचो अभिमान आशील्ले जाणी आपले पुराय जिवीत देशाखतिर समर्पित केल्लें अशे दिल्लींचे नायबराज्यपाल विनय कुमार सक्सेना हाणी म्हणाला .

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या दोन दिसांत कोंकण आनी गोंयातल्या कांय सुवातींनी घोग्यांनी  पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. 16 ते 19 ऑगस्ट ह्या काळांत उत्तर आनी दक्षिण गोंयांत वराक 40 ते 50 किमी.वेगान वारे व्हावतले देखून नुस्तेमारांनी  दर्यांत वचचे न्हय अशी शिटकावणी हवामान खात्यान दिल्या.

इझ्राएलांत जाल्ले ग्रॅण्ड स्लॅम जेरुसलेम एथलेटिक्स सर्तित  भारताचे  अंकिता ध्यानी हिणें भांगरा पदक जिखलां

ऑस्ट्रेलियांत जाल्या एनएसडब्ल्यू बेगा ओपन 2025 सर्तींत भारतीय स्क्वास खेळगडो अनाहत सिंग हाणे फायनलींत पावल घाला .

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या.